8th August2026
8.40am

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी मनाली प्रभुगावकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- प्रधांनमत्री नरेंद्र मोदी आयज आयआयटी दिल्लीच्या, दीक्षांत सुवाळ्याक संबोधित करतले. ते पदवीधर आनी पदव्युत्तर विद्यार्थ्यां वांगडाच, ५८७ पी.एच.डी संशोधकांसयत, तीन हजारां परस चड विद्यार्थ्यांक संबोधित करतले.

- भरती परीक्षेत कथित अनियमिततायेक लागून, आंदोलन करपी विध्यार्थ्यांवांगडा काल झारखंड सरकाराची, पयली औपचारीक बसका जाली.

- भारताचे पाकिस्ताना कडेन आशिल्ले संबंध फकत भय, वैर आनी हिंसाचार मुक्त वातावरणांतूच मुखार वचूंक शकतात, अशे विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणीं सांगला.

- भारत आनी श्रीलंका हांणी काल नवी दिल्लींत, वीज क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय सहकार्या विशीं जाल्ले बसकेचो, नियाळ घेतलो.

- भारतीय हवामान खात्यान, आयज उदेंत राजस्थान आनी ओडिशात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आता पुराय खबरो

पीएम आयआयटी -

प्रधांनमत्री नरेंद्र मोदी आयज आयआयटी दिल्लीच्या, ५७व्या पदवीप्रदान सुवाळ्याक संबोधित करतले. ते पदवीधर आनी पदव्युत्तर विद्यार्थ्यां वांगडाच, ५८७ पी.एच.डी

संशोधकांसयत, तीन हजारां परस चड विद्यार्थ्यांक संबोधित करतले. सोशयल मिडियाचेर एका केल्ल्या एका पोस्टात प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, की आयआयटी दिल्लीन संशोधन आनी नवकल्पनांच्या क्षेत्रांत व्हड योगदान दिलां. ह्या संस्थेच्या विद्यार्थ्यां आनी शिक्षकां मदीं उपस्थित रावपाक, ते इत्सुक आसात. काल नवी दिल्लींत एका पत्रकार परिषदेक संबोधित करताना, आयआयटी दिल्लीचे संचालक रंगन बॅनर्जी हाणीं सांगलें, की प्रधानमंत्री मोदी President's Gold Medal, Director's Gold Medal, Shankar Dayal Sharma Gold Medal, आनी Perfect Ten Gold Medals हे ह्या संस्थेचे म्हत्वाचे पुरस्कार, गुणवंत विद्यार्थ्यांक वितरित करतले. बॅनर्जी हाणीं मुखार सांगलें, की प्रधानमंत्री आयआयटी दिल्लीच्या सोनिपत कॅम्पसांत स्थापीत केल्ल्या, 'परम प्रज्ञा' या एआय-आधारित हाय-परफॉर्मन्स सुपर-कॉम्प्युटिंग सुविधेचें उद्घाटन करतले.

Randhir Jaiswal -

भारतान आंतरराष्ट्रीय उदका मार्गां वरवी, सुरक्षित आनी बिगर-अडखळीची वाहतूक तशेंच वेपाराच्या मुक्त प्रवाहाचो उलो दिला, कारण भारताच्या जहाजांची आनी खलाशांची सुरक्षा आनी रक्षण हाका, ताणीं व्हड प्राधान्य दिलां. नवी दिल्लींत पत्रकारांक म्हायती दितना, विदेश व्यवहार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणीं सांगलें, की आखाती प्रदेशांतलीं सगळीं भारतीय मिशनां थंयच्या वाहतूक मंत्रालय आनी सागरी प्राधिकरणां कडेन संपर्कांत आसात. सेगीत हेल्पलायन्स चालू आसात, जेणें करून आदार जाय आशिल्ली कोणूय व्यक्ति, तांच्या कडेन संपर्क साधूं शकता. नवी दिल्लीन, नागरी पायाभूत सुविधा आनी नागरी जहाजां तशेंच खलाशांक लक्ष्य करपा सावन, पयस रावपाचो उलो मारला. अमेरिकेच्या कायद्यादाराने प्रस्तावित परदेशी योगदान (नियमावली) सुधारणा विधेयकाचेर घेतलेल्या आक्षेपाच्या प्रश्नाचेर बोलताना जयस्वाल हाणीं सांगलें की भारतान हे आक्षेप न्हयकारल्यात आनी तांचे कायदेशीर विशय हे तांचे अंतर्गत विशय आसात जाचेर संसदेक निर्णय घेवपाचो अधिकार आसा.

अमित शहा -

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज मुंबंयत, नॅशनल अर्बन को-ऑपरेटिव्ह फायनान्स अँड डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन लिमिटेड (NUCFDC) च्या नव्या कार्यालयाचें उक्तावण करतले. गृहमंत्री महाराष्ट्रांतल्या राज्य नागरी सहकारी बँक महासंघ आनी जिल्हा संघटनांच्या प्रतिनिधीं कडेन लेगीत संवाद साधतले. उपरांत. मंत्री शाह बी.एस.ई आंतरराष्ट्रीय अधिवेशन केंद्रांत हाजीर रावतले. नागरी सहकारी बँकांची सायबर सुरक्षा बळकट करपा खातीर, ते सुरक्षा ऑपरेशन्स सेंटर (SOC) चें उक्तावण करतले.

Jharkhand Protest -

झारखंड सरकार आनी आंदोलन करपी विद्यार्थ्यांच्या, धा वांगड्यांची पयली औपचारीक बसका काल, सांजे जे.पी.एस.सी आनी जे.एस.एस.सी परिक्षेंत जाल्ल्या अनियमिततायेक लागून जाली. सुमार देड वराचे बसकेंत. विद्यार्थ्यांनी भरती परिक्षेंत पारदर्शकता, आरोपाची नि-पक्षपाती चवकशी आनी भरती प्रक्रियेंत, व्यापक सुदारणा करपाची मागणी, परतून सांगली. ह्या उलोवपांत चार राज्यमंत्री आनी आयुक्त हांणी ,सरकाराचें प्रतिनिधित्व केलें. विद्यार्थ्यांच्या मागण्यांक, सरकार सकारात्मक पावलां उबारतलें, अशें सांगून बसके वेळार उक्तायिल्ले सगळे प्रस्न, मुख्यमंत्र्या मुखार दवरतले, अशे आश्वासन मंत्रीमंडळांन दिला. विद्यार्थ्यांनी ही उलोवणी सकारात्मक अशें म्हणलें. पूण लेखी निर्णय आनी ठोस कारवाय सुरू जाय मेरेन, निशेध चालू उरतलो, अशें सांगलें. सरकार संवेदनशील आसा आनी संवादांतल्यान हो प्रस्न सोडोवपाक कटिबद्ध आसा, अशें मुख्यमंत्री हेमंत सोरेन हांणी सांगलें.

इंडिया श्रीलंका -

भारत आनी श्रीलंका हांणी काल नवी दिल्लींत, वीज क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय सहकार्या विशीं जाल्ले बसकेचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण केंद्रीय वीज आनी घरां आनी शारी वेव्हार मंत्री मनोहर लाल हांणी केलें, जाल्यार श्रीलंकेच्या बंदरां आनी नागरी विमान येरादारी मंत्री आनी उर्जा मंत्री अनुरा करुणा-

थिलाके हांणी श्रीलंकेच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण केलें. वीज मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, प्रस्तावीत भारत-श्रीलंका High Voltage Direct Current जोडणी सयत चालू आशिल्ल्या द्विपक्षीय उपक्रमांची प्रगतीचो, दोनूय मंत्र्यांनी नियाळ घेतलो.

जयशंकर लोकसभा -

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणीं लोकसभेंत एका लिखीत जापेत सांगलें, की भारताचे पाकिस्ताना कडेन आशिल्ले संबंध फकत भय, वैर आनी हिंसाचार मुक्त वातावरणांतूच मुखार वचूंक शकतात. पुलवामा दहशतवादी हल्ल्या उपरांत, भारतान पाकिस्तानाक दिल्लो 'मोस्ट फेव्हर्ड नेशन' दर्जो फाटीं घेतलो आनी पाकिस्तानातल्यान येवपी, वा थंय निर्यात जावपी सगळ्या म्हालाचेर अबकारी कर, २०० टक्क्यांपर्यंत वाडयलो. पुलवामा हल्ल्या उपरांत, भारतान सिंधु उदका कबलात स्थगित दवरप, अटारी चेक-पोस्ट बंद करप, व्हिसा मर्यादीत करप आनी आपापल्या मिशना मदीं, राजनैतिक आनी अधिकृत उपस्थिती कमी करप, या सारक्यो जायत्यो कारवायो केल्यो.

MSME Bill –

संसदेन सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्योग विकास (सुधारणा) विधेयक २०२६ मंजूर केलां, लोकसभेन ताका मान्यताय दिली. राज्यसभेन सोमारा, हे विधेयक मंजूर केल्लें. एम.एस.एम.ई मंत्री जितन राम मांझी हाणीं सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्योग विकास कायदो, २००६ मदीं सुधारणा करपा खातीर, काल हे विधेयक मांडले.

पंजाब ड्रुग्स -

पंजाबचे राज्यपाल आनी चंडीगडचे प्रशासक गुलाबचंद कटारिया हाणीं, आवयांक पंजाबांतल्या घुंवळी वखदां आडच्या झुजाचें, नेतृत्व करपाक प्रोत्साहन दिलें. ताणीं सांगलें, की आवय आनी तिच्या भुरग्या मदीं आशिल्लो भावनिक संबंद, तिका आपल्या भुरग्यांक घुंवळी वखदां सावन पयस दवरपाक, प्रोत्साहन दिवपा खातीर सगळ्यांत प्रभावी बळगे दिता. पंजाब एल.आय.टी फाउंडेशन आनी चंडीगड शिक्षण विभागान, चंडीगडांत आयोजित केल्ल्या 'मदर्स अगेन्स्ट ड्रग्ज' कार्यशाळेक संबोधित

करताना, राज्यपालांनी या मोहिमेची संकल्पना मांडल्या खातीर, फाउंडेशनचे सह-संस्थापक खुशवंत सिंग हांच्या यत्नांची तोखणाय केली.

वेटलिफ्टर -

भारतीय वेटलिफ्टर तितली माझी हिने ताश्कंद, उझबेकिस्तान हांगा सुरू आशिल्ल्या, आशियाई युथ आनी ज्युनियर वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपांत, बायलांच्या ४५ किलो गटांत रुप्या पदक जिखून, देशाखातीर प्रभावी सुरवात केली.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान, आयज उदेंत राजस्थान आनी ओडिशात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उदेंत उत्तर प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, उदेंत मध्य प्रदेश, झारखंड, छत्तीसगड, कोंकण, गोंय, आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी उटांगराचो पावस पडपाचो, अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधांनमत्री नरेंद्र मोदी आयज आयआयटी दिल्लीच्या, दीक्षांत सुवाळ्याक संबोधित करतले.

- भरती परीक्षेत कथित अनियमिततायेक लागून, आंदोलन करपी विध्यार्थ्यांवांगडा काल झारखंड सरकाराची, पयली औपचारीक बसका जाली.

- भारताचे पाकिस्ताना कडेन आशिल्ले संबंध फकत भय, वैर आनी हिंसाचार मुक्त वातावरणांतूच मुखार वचूंक शकतात, अशे विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणीं सांगला.

- भारत आनी श्रीलंका हांणी काल नवी दिल्लींत, वीज क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय सहकार्या विशीं जाल्ले बसकेचो, नियाळ घेतलो.

- भारतीय हवामान खात्यान, आयज उदेंत राजस्थान आनी ओडिशात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!